# कदंब येरादारी म्हामंडळा वतीन वेलांकणी तीर्थयात्रेची घोशणा

ता. 17 जुलय 2025

कदंब येरादारी म्हामंडळान गोंयांतल्यान वेलंकणी वचपाक दोन विशेश तीर्थयात्रा ट्रीपींची घोशणा केल्या. वेलंकणी वचपी भाविकांक नवीन वातानुकूलित स्लीपर बसीतल्यान आरामशीर प्रवास करपाक मेळटलो.

माङ्डी खातीरची पयली ट्रिप 27 ऑगस्ट 2025 दिसा जाल्यार फेस्ता खातीरची दुसरी ट्रिप 5 सप्टेंबर 2025 दिसा गोंयच्यान सुरू जातली. म्हापशेंच्यान सकाळी 8.30 वरांचेर, पणजेच्यान सकाळी 9.00 वराचेर, मडगावच्यान सकाळी 10.00 वरांचेर आनी फोंडेच्यान सकाळी 10.30 वराचेर बस सुट्टली. यो-वच करपाच्या तिकेटीचे भाडे 6,000/- रुपया (जीएसटीसयत) आसतले.

तिकीट बुकिंग करपा खातीर म्हापसा - 9226582252, पणजी - 9423055747, मडगाव - 9226582245, फोंडा - 9226582251 आनी वास्को - 9226582251 हांगा कदंब बस स्टँडावयल्या बुकिंग काउंटराचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/621

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.